१८-०६-२०२५

सकाळी - ७.२५

प्रादेशिक खबरो

गोंय क्रांती दिस 180

आयज गोंय क्रांती दिस. तेनिमतान राज्यपाल पी एस श्रीधरन पील्लई आनी मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी समेस्त गोंयकारांक गोंय क्रांती दिसाची परबी भेटयला. राज्यपालानी आपल्या संदेशात म्हणला “जूनाच्या गोंय क्रांती 18 दिसाच्या इतिहासीक प्रसंगार हांव गोंयच्या सगळ्या लोकांक म्हजी उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयतागोंय क्रांती.

दीस हो गोंयच्या इतिहासातलो एक म्हत्वाचो दीस आसा नी पोर्तुगीजच्या सत्तेतल्यान आपल्या मायभुंयेक मुक्त करपा खातीर आपल्या जीणेचो त्याग केल्ले हुतात्मे आनी स्वातंत्र्य सैनिकांच्या त्यागाचो उगडास करपाक दर वर्सा आमी 18 जूनाक हो दीस मनयतात.18 जून 1946 दिसाची मडगांव शारांतली सांज गोंय स्वातंत्र्य चळवळीच्या इतिहासातलो विसरूंक शकना असो दीस आसा. ह्याच दिसा स्वातंत्र्य चळवळीतले म्हान फुडारी डॉराम . मनोहर लोहिया आनी

डॉ. ज्युलियाव मिनेझिस हांणी सालाझार हुकूमशाय सत्तेआड चळवळ सुरू केली. हे दोन मनीस क्राती सुरू करपा खातीर जापसालदार आशिल्लें. 18 जून 1946 दिसा तांणी मडगांवा गोंयांक पोर्तुगीजच्या सत्तेतल्यान मुक्त करपाची ज्योत

पेटयली आनी निमाणे दिसा गोंय परकीय सत्तेतल्यान मुक्त  1961 डिसेंबर 19 .जालें आयच्या ह्या उगडासाच्या  दिसा आमी सगळ हुतात्मे, स्वातंत्र्य सैनिक आनी फुडाऱ्यांक आदरान नमन करूया, जांच्या धाडसाक लागून गोंय भारताचो भाग जालो आनी आपलो फुडार निश्चीत केलो.आज आमी  आमच्या भारत देशाक आनी गोंय राज्याक विकसीत भारत, विकसीत गोंय, 2047 मार्गार व्हरपाक स्वता समर्पित जावया, अशें  राज्यपालानी म्हणला

DIP140

मुख्यमंत्री डॉप्रमोद सावंत हांणी गोंय क्रांती दिसा .चे पूर्वसंध्येर  गोंयच्या जनतेक परबीं दिल्या. मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात गोंय मुक्ती चळवळीच्या इतिहासत गोंय क्रांती दिसाक खास म्हत्व आसा. आशे म्हणला.  1946 जून 18 दिसा गोंयकारांनी पोर्तुगीजांच्या  सत्तेआड उकतेपणी बंड सुरू केले . ह्याच दिसा राष्ट्रवादी फुडारी आनी स्वातंत्र्य सैनिक डॉराम  . मनोहर  लोहिया आनी डॉ.  ज्युलियो मिनेझिस हांणी आपल्या भाशणातल्यान गोंयच्या लोकांक पोर्तुगीज सत्तेआड लडपाचो उलो मारलो.  गोंय मुक्ती चळवळीत हजारांनी गोंयकारांनी आपखोशेन वाटो घेतलो. तांकां व्हड त्याग करचो पडलो आनी अनेक कश्ट भोगचे पडले. गोंय मुक्तिखातीर कितलेशेच  सुटके झुजारी हुतात्मे जाले. आयज गोंय मुक्ती खातीर आपल्या जीणेचो त्याग केल्ल्या सगळ्यां  हुतात्म्यांचो आनी स्वातंत्र्य सैनिकांचो उगडास करून तांकां  आमी

नमन करूया आनी विकसीत भारत, विकसीत गोंयांखातीर स्वता समर्पित जावया, अशें मुख्यमंत्र्यान आपल्या संदेशात म्हणला

मुखेलमंत्री 170

पर्यावरणाचो सांबाळ, शेतकार आनी थळाव्या लोकांचे हित सांबाळून शाश्वत खण उद्देग सुरू रपाक सरकाराचे प्रयत्न आसून राज्यांत खण उद्देग परत सुरू करतना सगळ्या गजालींचो विचार जातलो आनी त्या खातीर सरकार सगळ्या वेवसायिकांक विश्वासात घेतले, अशें मुख्यमंत्री डॉप्रमोद . सावंत हांणी काल पर्वरे खण खात्यान खण क्षेत्रांतल्या वेवसायिकांक संवेदनशील करपा खातीर गोंयांतल्या खनिजांचो सोद, आव्हाना, संदी आनी फुडाराचो मार्ग ह्या विशयाचेर आयोजीत एका दिसाच्या कार्यशाळेचे उक्तावण केले उपरांत उलयतना सांगलें. राज्यांत खण उद्देग सुरू करतना शेतकारांचे हित आनी पर्यावणाचो सांबाळ करपा खातीर येवजण आखपा वांगडाच थळाव्या लोकांक रोजगार उपलब्ध करून दिवपा खातीर कुशळटाय विकासाचेर भर दितले . गोंयच्या खनिज संपत्तीचो थळाव्या लोकांक लाव मेळोवन दिवप तितलेच म्हत्वाचे आसा, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

जनगणना- 90

भारत सरकारान १६ वी राश्ट्रीय जनगणना करपाखातीर अधिसुचोवणी जारी केल्या हांतुन जाती .निहाय जनगणना करपाचो आसपाव करप हो महत्वाचो

निर्णय जावन आसामार्च . २०२७ सावन ही जनगणना करपाक सुरु जातलीहो महत्वाचो निर्णय थारतलो २०४७ विकसित भारत., हाका लागुन अर्थिक आनी समाजीक मळार सुदारणा करपाखातीर उपेग जावन सरकाराक नागरीकांच्या उदरगतीच्या नदरेतल्यान वेगवेगळी धोरणा आखपाक बरे जातले. विकसित भारत २०४७ करतना अंत्योदय , ग्रामोदय आनी सर्वोदय महतव दिंवन प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी घेतिल्लो हो निर्णय इतिहासिक आनी महत्वाचो आसा अशें मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळाजाती निहाय जनगणना करपाच्या . निर्णयाचे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी स्वागत केला.

तापमान **40**

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान32 .2 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान **26** डिग्री सेल्सिअस आनी हवेतली आर्द्रता **87 %** नोंद जाला**.** राज्यात फुडले चार दिस **32-26** डिग्री सेल्सिअस तापमान आसतले आणि फुडले चार दिस खुपशा वाठारानी पावस पडू येता

हॉकी इंडिया मास्टर्स कप - ११०

चेन्नईत आयजसावन दादल्यांच्या आनी बायलांच्या हॉकी इंडिया मास्टर्स कप सर्तीक सुरुवात जातली. तामिळनाडू हॉकी युनिटवरवी ह्या १० दिस चलपी सर्तीचे आयोजन केल्या. ह्या सर्तीत ३५ वर्सा पिराय वयल्यो बायलां आनी ४०

वर्सा पिरायवयले दादले वाटेकार जातले. ह्या सर्तीत बारा दादल्यांचो आनी आठ बायलांचो पंगड वाटेकार जातलो. पयली गट पावंड्यार खेळ जातले, उपरांत बाद फेरी आनी मागीर निमणो खेळ जातलो.